KONKANI

# भारताचें संविधान

## उद्देशिका

**आमी**, भारताचे लोक, भारताचें एक [1]**[सार्वभौम समाजवादी धर्मनिरपेक्ष लोकशाय गणराज्य]** घडोवपाचो आनी ताच्या सगल्या नागरिकांक :

समाजीक, अर्थीक आनी राजनितीक **न्याय**;

विचार, अभिव्यक्ती, विस्वास, श्रद्धा आनी उपासना हाचें **स्वातंत्र्य**;

दर्ज्याची आनी संदेची **समानताय**;

निश्चितपणान प्राप्त करून दिवपाचो आनी त्या सगल्यांमदीं व्यक्तीची प्रतिश्ठा आनी [2][राष्ट्राची एकताय आनी एकात्मताय] हांचें आश्वासन दिवपी **भावकी** प्रवर्धीत करपाचो संकल्पपूर्वक निर्धार करून; **आमचे हे संविधानसभेंत** आज तारीक 26 नोव्हेंबर, 1949 दिसा (मिती मार्गशीर्ष शुक्ल सप्तमी, संवत् 2006 विक्रमी) **हेवरवीं हें संविधान अंगीकृत आनी अधिनियमीत करून स्वताप्रत अर्पण करतांत.**

---

1. *संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनियम, 1976, - अनुभाग 2 वरवीं (3-1-1977 सावन) 'प्रभुत्व-संपन्न लोकतंत्रात्मक गणराज्य' ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.*

2. *किल्लो - 'राष्ट्राची एकताय' ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.*